प्रदेशिक खबरो   28.07.२०२५ @ ७.20

तीन वर्साच्या काळात  सोलर हायब्रीड फेरीबोट फकत  तीनूच म्हयने चल्ली. ही फेरीबोट कित्याक  हाडली  विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांचो सरकाराक प्रस्न

आमदार  प्रवीण अर्लेकार हांणी शुन्य वराक  उच्च माध्यमिकांनी वरा कोतार शिकोवपी शिक्षकांच्या भत्त्यात वाड करची अशी मागणी केल्या.

एक सुधारीत सुटसुटीत अशी अटल आसरा येवजण सरकार चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या

गोंयांत बेकायदेशीर तरेन  होम स्टे दिवपाचो वेवसाय करप्यांचेर कडक कारवाय जातली अशे आस्वासन पर्यटन खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या

रश्मी 180

गोंयच्या न्हंयांचो  अभ्यास केल्या पळोवणेत हांग  सोलर हायब्रीड फेरीबोट सेवा सुरु  करप समा जायना असो बंदर  कप्तन खात्याचो अहवाल आसतना लेगीत न्हंय येरादारी खात्यान सुमार चार कोटी रुपया खर्च करुन पर्वरी- बेती  रुटार  ही फेरीबोट कित्याक  हाडली असो प्रस्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विचारुन सरकाराक  धारेर धरलो. तीन वर्साच्या काळात ही फेरीबोट फकत  तीनूच म्हयने चल्ली. तातुंनुय मदी  मदी  मोडील्लया कारणान ह्या फेरीबोटीत  प्रवास करापचे लोकांनी टाळळे ,मागीर  ती  परत  दुरुस्त करुन काय दिस ही फेरीबोट चलयली खरी , मात उपारांत   ती तशीच उपयोगा विणे पडुन उरली.६वर्सांत   राज्यातल्या वेगेवगळया फेरीबेटीच्या दुरुस्तीखातीर  ३५ कोटी रुपया सराकरान खर्च केल्यात.  ह्यो आदल्यो फेरीबेटो दुरुस्ती करच्या परस ताच्य बदला नव्यो फेरीबोटी सराकरान घेतल्यार  त्यो फायद्याक आशिल्लयो अशे युरी आलेमाव हांणी म्हणले .

ह्यावेळार अंतर्गत जलमार्ग मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी सध्या राज्यात ३२ फेरीबोटी आसात, ह्यो फेरीबोटी १८ – १८ वरा चलतात, ताका लागुन तांची दुरुस्ती करप गरजेचे आसता, ताका खर्च येताच, सध्या ज्यो फेरीबोट चलता त्यो १५- २० वर्सा पयली घेतिल्लयो अशी म्हायती दिली सोलर फेरीबोट दुरुस्त करपाक बेगीनुच कंत्राट काडटले. ताचे उपारांत ह्या फेरीबोटीचो उपेग करतले. अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिली.

रश्मी 170

उत्तर गोयांतल्या कुजिरा शाळा संकुलाप्रमाण दक्षीण गोयांत सरकार संकुल उबारतले. हे खातीर मडगावा प्रायम जाग्यार सरकारान १ लाख चौखण मीटर सुवात घेतल्या. तीन म्हयन्याच्या काळा भितर मडगावंच्या पात्र शिक्षणिक संस्थांक सरकार प्लॉट दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दिल्या. आमदार प्रवीण अर्लेकार हांणी शुन्य वराक उच्च माध्यमिकांनी वरा कोतार शिकोवपी शिक्षकांच्या भत्त्यात वाड करची सध्याक हो भत्तो ४०० रुपया आसा , तो भत्तो ६५० रुपया करचो अशी मागणी केल्या.

राश्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लायल्या उपरांत शिकोवपाचे तास वाडल्यात, हाका लागुन विद्यार्थ्यांचेर ताण येता, ताका लागुन सराकरान शिकोवनेचे तास उणे करचे अशी मागणी आमदार कार्लोस फरेरा हांणी केलीजाल्यार सध्याक शिकवणीचे तास फकत शिकोवपा खातीरच न्ही जाल्यार हेर शैक्षणिक बाबीखातीर लेगीत वापरताता अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान सबाघराक दिला. जाल्यार राज्यात बरयोचशो सरकारी मुळाव्यो कोंकणी वा मरठी शिकोवपी शाळा बंद पडल्यात अशे आमदार विजय सरदेसाय हांणी सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले. अशा जाग्यांचेर संबंधित लोकप्रतिनिधीनी ह्या

भाशांनी शिक्षण घेवपी कमीत कमी २० तरी विद्यार्थी आसता हे दाखोवन दिल्या उपरांत अश्यो बंद पडील्यो शाळा सुरु करता अशे आस्वासन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिले

रश्मी 200

अटल आसरा येवजणेत सुधारणा करुन ही येवजण सर्वसामान्याक उपलब्ध करुन दिवपाच्या फांटभुयेंर सराकार काम करतले समाज कल्याण खाते,ग्रामीण उदरगत खाते, तशेंच गृहनिर्माण म्हामंडळाक घेवन एक सुधारीत सुटसुटीत अशी अटल आसरा येवजण सरकार चालीक लायतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंणी सभाघरात दिले.गोंय सरकाराची अटल आसरा येवजणेचो लाव घेवपाक कागदापत्रांची जी प्रक्रिया आसा ती कीचकट आसा. अटल आसरा येवजणेचो लाव घेवपी मनीस हो अर्थिक रित्या घर बांधपाक सक्षम ना म्हण ताचे खातीर ही येवजण तयार केला. मात कीचकट प्रक्रियेक लागुन बऱ्याचश्या नागरीकांक ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक मेळना अशे आमदार निलेश काब्राल हंणी लक्षवेधी सुचनेत सराकराच्या नदरेक हाडुन दिल्ले. सरकारान ह्या येवजणेचे पयशे लावार्थ्यांक दिवचे परस असी घरा बांधपाक कंत्राटदार नेमुन सराकारन थेट घराच अशा लाभार्थ्यांक बांदुन दिवची अशी सुचोवणी ह्यावेळार आमदार निलेश काब्राल हांणी केली.

जाल्यार सभापती रमेश तवडकार हांणी गोंय सरकार सध्या घर बांदपाक तशेंच घराच्या दुरुस्तीक जो निधी दिता तो उणो आसुन प्रधानमंत्री आवास येवजण तशेंच गोंय सराकराची येवजण एकठाय करुन लाभार्थ्यांक घरा बांदपाच्या निधीत वाड करची अशी सुचोवणी मुखेलमंत्र्याक केल्या. ह्या येवजणेत सुधारणा करची ह्या मागणेक आमदार एल्टन डीकोस्टा, गणेश गावंकार, विरेश बोरकार, संकल्प आमोणकार, हांणी तेको दिला. सध्या अटल आसरा येवजणे वरवी

गरजु लाभार्थ्यांक दिव्पी ३ लाख रुपय आणि घराच्य दुरुस्तीखातीर देड लाख रुपया वाडोवपाची गरज आसा अशे मत सभाघराच्या वांगडयांनी व्यक्त केला.

रश्मी 140

गोंयांत बेकायदेशीर तरेन जे होम स्टे दिवपाचो वेवसाय सुरु जाला, ताचे आड पर्यटन खात्यान कडक कारवाय करची अशी मागणी आमदार मायकल लोबो हांणी शुन्य वराक केल्ली. अशा बेकायेदशीर होम स्टें खातीर कायदो आनी सुवेवस्था, सुरक्षिततायचे प्रस्न , तशेचं भौशिक साधन सुविधांचेंर ताण येता. ताका लागुन होम स्टे दिवपी कंपन्यांनी वा आस्थापनांनी तांची नोंदणी सरकाराकडे करची अशी मागणी मायकल लोबो हांणी केली byte . रहिवासी इमारतीनी जर बेकायेशीर होम स्टे कोण दिता आसत जाल्यार संबंधित हावसिंग सोसायट्यांनी १ ३ ६ ४ ह्या नंबराचेंर फोन करुन कागाळ करची ,ही कागाळ आल्या उपरांत अशी बेकायदेशीरपणा करप्यांचेरं कडक कारवाय जातली अशे आस्वासन पर्यटन खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. अशे होम स्टे चडशे करुन दिल्लीकार, तशेंच कोरोना काळात ज्या गोंयाभायल्या नागरीकांनी गोंयांत येवन 2nd home घेतल्यात ते दितात अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. पर्यटन खाते अशा होम स्टेंचेर कडक कारवाय करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिला.

rashmi 140

परत परत लायट वचपी वाठारातल्या लोकांक वीज खात्यान लुकसाम भरपाय दिवची. जोड वीज नेमन आयोगाच्या नेमाप्रमाण अशी लुकसाण भरपाय दिवपाची तजवीज आसा, मागीर परत परत लायट वचपी वाठारातल्या

लोकांक सरकार ह्या नेमाप्रमाण लायट सेवा दिंवक मेळुंक ना म्हण लुकसाण भरपाय दितली काय ना असो प्रस्न बाणावलीचो आमदार वेन्झी विएगश हांणी वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांका केल्लो. हयावेळार वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी राज्यातल्यो वीज खात्याचो सुविध जाग्यार पडल्या उपरांत हो नेम चालीक लावप सारके जातले अशे म्हणला.

मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी मये मतदार संघातल्या चोडण भागात परत - परत लायट वता अशे सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिल्ले. वीज कात्यान हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी तांणी विधानसभा कामकाजाच्या प्रस्नोतराच्या वराक केल्लो. वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हंणी ह्या मतदारसंघात १४० कोटी रुपयापैक ११० कोटी रुपयाची कामा मंजुर जाला अशी म्हायती ह्यावेळार भआघराक दिला. ही कामा जातकच चोडण गावांतलो लायचीटो प्रस्न सुटावो जातलो अशे तांणी म्हणला.

गणेश 110

नगरपालिका वा म्हापालिका वाठारात एकाच घरात रावपी विभक्त कुटुंबांक आता स्वतंत्र घर नंबर मेळपा सयत वीज आनी उदकाची स्वतंत्र जोडणी मेळटली. हे विशीचे परिपत्रक शार उदरगत खात्यान जारी केला.हो निर्णय विकसित गोंय करपाच्या नदरेन पूरक आसा. दर एकल्याक मान सन्मानाक जगप शक्य जावचें म्हूण हो निर्णय घेतला, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. लग्ना उपरांत कुटुंबाचो जसो विस्तार जाता. तसो घरातल्या मनशांचो आकडो वाडटा. हाका लागून काय जाण एकेच घरांत वेगळे रावपाक लागता. तांका स्वतंत्र विजेची जोडणी, उदकाची जोडणी घेवप आवश्यक थारता. तरी लेगीत घर नंबर वेगळो नाशिल्ल्यान वेगळी उदकाची आनी विजेची जोडणी मेळपाक आडखळी येतात. म्हापालिका वा नगरपालिकेन उदक आनी वीज जोडणीच्या एनओसी सयत १५ दिसांत अर्ज निकालात काडप बंधनकारक आसा. अशें परिपत्रकात म्हणला.

महेश 60

हेर जील्याकडे जोडणी कशे तरेचो जातली  असो विचार करून तिसरया जिल्याचे हेड क्वार्टर आणि नाव किते दिवप ते सरकार ठरयतलो अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी खबराकराक सांगले

सभापती रमेश तवड्कार, आमदार निलेश काब्राल आणि आपुण मुखेल मंत्र्याकडे तिसरो जिल्लो खय जावचो हे विशी उलयले आणि आदिवासी समाजाक मतीत धरून तो करचो अशे सूचयले अशे मंत्री सुभाष फळदेसाई हाणी खबराकारांक सांगले

स्पोर्ट्स 30

धुलेर हांगा खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या 17 वर्सां सकयल्या चल्यांच्या सुब्रोतो मुखर्जी फुटबॉल सर्तींत सेंट झेवियर उच्च माध्यमीक शाळेन सेंट जोसेफ हायस्कुल, कलंगूटचेर 7-0 अशी हार घाली

तापमान २0

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काय एकसूरया सुवातिनि दडकानी  पावस पडू येता असो आदमास वेध शाळेन उकतायला